# <u>गोंय राज्य चित्रपट महोत्सव - 2018</u>

ता.20 एप्रिल 2018
30 चैत्र 1940

9 वो गोंय राज्य चित्रपट महोत्सव-2018 ता. 3 ते 6 मे 2018 मेरेन आयोजित करतले. महोत्सवाचो उक्तावण सुवाळो ता. 3 मे दिसा सांजेच्या 5 वरांचेर माकानिझ पॅलेस ऑडीटोरियमात जातलो. उक्तावण सुवाळया उपरांत के सेरा सेरा हो चित्रपट प्रदर्शित करतले. महोत्सवाचो पुरस्कार वितरण सुवाळो आयतार 6 मे दिसा सांजेच्या 5 वरांचेर जातलो आणि उपरांत महोत्सवातलो उत्कृश्ट चित्रपट प्रदर्शित करतले.

1 जानेवारी 2016 ते 31 डिसेंबर 2017 मजगती तयार जाल्ले चित्रपट महोत्सवाखातीर पात्र आसात. या महोत्सवाखातीर 10 चित्रपटाच्यो प्रवेशिका आयिल्ल्यो आसून 9 कोंकणी, 1 मराठी आनी 2 नॉन फिचर फिल्माचो आस्पाव आसा. श्री. गिरीश कासरवल्ली, प्रतिमा कुलकर्णी, अशोक पत्की आनी मिनाक्षी शेड्डे हे फिचर फिल्म विभागाखातीर ज्युरी आसात. श्री. द्युतिमान चटर्जी, श्री. अमृत प्रितम दत्त, स्पंदन बॅनर्जी हे नॉन फिचर फिल्म विभागाचे ज्युरी आसात.

फिचर फिल्म विभागाखातीर 21 पुरस्कार आसात. उत्कृश्ट पयलो चित्रपट पाच लाख, दुसरो उत्कृश्ट चित्रपट तीन लाख, उत्कृश्ट दिग्दर्शन पयलो पुरस्कार 50 हजार, दुसरो 35 हजार आनी उरिल्ले सगळे वैयक्तिक पुरस्कार प्रत्येकी 25 हजाराचे आसतले. नॉन फिचर फिल्म विभागाखातीर बेस्ट फिक्शन फिल्म 1 लाख आनी उत्कृश्ट नॉन फिक्शन फिल्म 1 लाख आनी हेर चार पुरस्कार प्रत्येकी 25 हजांराची आसतले. उत्कृश्ट फिल्माखातीर 20 हजाराचो पुरस्कार आसतलो. या सर्तीत सहभागी जाल्ले सगळे चित्रपट 3 ते 6 मे 2018 मेरेन माकानिझ पॅलेस 1 आनी 2त लोकांक पळोवपाक पयले येवप्याक पयली प्रमाण प्रवेश मेळतलो.